**स्वयंपुर्ण गोंय मोहिमेची शारी वाठारांतय अंमलबजावणी करतले- मुख्यमंत्री**

ता. 5 जानेवारी 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज विंगड विंगड खात्यांच्या अधिकाऱ्यांवागडा बसका घेवन स्वयंपुर्ण गोंय मोहिम राज्यांतल्या नगरपालिका वाठारांनी राबोवपाविशीं चर्चा केली.

बसकेक नियोजन आनी सांखीकी खात्याचे संचालक डॉ. वाय. दुर्गाप्रसाद, नगरपालिका प्रशासन संचालक डॉ. तारीक थॉमस, उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य खात्याचे संचालक श्री. दिपक एम. बांदेकर, तांत्रिक शिक्षण संचालक श्री. विवेक कामत, मुख्यमंत्र्यांचे जोड सचिव श्री. व्ही. पी. डांगी आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्ले.

बसकेत उलयताना मुख्यमंत्र्यान सांगले, स्वयंपुर्ण गोंय मोहिमेची राज्यांतल्या नगरपालिका वाठारांनी रोखडीच अंमलबजावणी करपात येतली आनी त्या खातीर कुशळ मनिसबळ तयार करपात येतले. तशेंच मोहिमेच्या अंमलबजावणी खातीर शिक्षण, उच्च शिक्षण आनी गीपार्डा वतीन सर्वेक्षण करपात येतले. ह्या सर्वेक्षणांत राज्यांत आवश्यक आशिल्ले मनिसबळ तयार करून ह्या मनिसबळाचो खाजगी क्षेत्रात कसो वापर करप हाचेर भर दितले. सरकारान तांत्रिकी शिक्षण, उद्देग आनी मजूर खात्याकडेन हे बाबतीत अहवाल मागला. कुशळ मनिसबळ तयार करप हो मुखेल उद्देश आसतलो. अशें केल्ल्यान थळाव्यां तरणाट्यांक रोजगार मेळपाक मदत जातली, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/16

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji